# म्हजी लॅब, बरी लॅब - प्रयोगशाळा पुरस्कार जाहीर

ता. 4 सप्टेंबर 2026

शिक्षण संचालनालयान शिक्षणीक वर्स 2025-26 खातीर 'म्हजी लॅब, बरी लॅब — गोंय राज्य सर्वोत्कृश्ट आयसीटी प्रयोगशाळा पुरस्कार येवजणेच्या जैतिवंताची घोशणा केल्या.

उत्तर गोंयांत फादर आग्नेल हायस्कूल, पिलार (श्रेणी अ) आनी जी.एस. आमोणकर विद्या मंदिर, म्हापसा (श्रेणी ब) ह्यो जैतिवंत संस्था आसात. दक्षीण गोंयांत सर्वोदय एज्युकेशन सोसायटीचे उच्च माध्यमिक विद्यालय, बारजाण उसगाव (श्रेणी अ) आनी होली रोझरी कॉन्व्हेंट हायस्कूल, नुवें साश्ट (श्रेणी ब) ह्यो जैतिवंत संस्था आसात. कुशावती जिल्ह्यात गव्हर्नमेंट हायस्कूल, आंबावली केपे (श्रेणी अ) आनी पी.एम. श्री सरकारी हायस्कूल, गवळ खोल, काणकोण (श्रेणी ब) जैतिवंत संस्था आसात

ह्या येवजणे खाला 'अ' श्रेणीतल्यान प्रत्येक जिल्ह्यातल्या एका जैतिवंत आयसीटी प्रयोगशाळेक प्रत्येकी 2,00,000/- रूपयांचे तीन पुरस्कार, जाल्यार 'ब' श्रेणीतल्यान प्रत्येक जिल्ह्यातल्या एका जैतिवंत आयसीटी प्रयोगशाळेक प्रत्येकी 3,00,000/- रूपयांचे तीन पुरस्कार दितात.

शिक्षण संचालनालयान सगळ्यां जैतिवंत शाळांचे अभिनंदन करून आयसीटी पायाभूत सुविधा मजबूत करपा खातीर आनी शालेय वातावरणात तंत्रज्ञानाच्या प्रभावी वापराक प्रोत्साहन दिवपा खातीक शाळा प्रशासन, शिक्षक आनी शिक्षकेतर कर्मचारी आनी विद्यार्थ्यांनी केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय केल्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/617

--
---------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.